**सांखळे भलायकी तपासणी शिबीर जाले**

ता. 20 एप्रिल 2022

भलायकी सेवा संचालनालयान आझादी का अमृत महोत्सवाचो एक भाग म्हूण गट पांवड्याचेर सांखळीच्या समाजीक भलायकी केंद्रात आयज आयोजीत केल्ल्या भलायकी तपासणी शिबीराचे उक्तावण श्रीमती सुलक्षणा सावंत हांचे हस्तुकीं जाले.

ह्या वेळार उलयताना श्रीमती सावंत हांणी मनशाक शारीरिक भलायकी वांगडाच मानसिक भलायकी आवश्यक आशिल्ल्याचे सांगून दोतोरांनी दुयेंत मनशाचेर उपचार करतनाच तांचे समुपदेशन करून तांची चिंता, उदासपण, भंय, ताणतणाव पयस करपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगलें.

श्रीमती सावंत हांणी कोवीड म्हामारीच्या काळांत भलायकी कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्या सेवेचीय तोखणाय केली.

मुख्य वैजकी अधिकारी डॉ. रूपा नाईक हांणी भलायकी सेवा संचालनालयावतीन आयोजीत करपात येवपी उक्रमांची म्हायती दिवन लोकांनी सरकारावतीन दिवपात येवपी भलायकी सेवा आनी सुविधांचो लाव घेवपाक सांगलें.

सुरवातीक मानेस्तांच्या हस्तुकीं दिवली पेटोवन भलायकी शिबीराचे उक्तावण केले. भलायकी अधिकारी डॉ. उत्तम देसाय हांणी येवकाराचे उलवप केले.

डॉ. कल्पिता पोतदार हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी डॉ. अतुल हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/275

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,

Near Azad Maidan, Panaji